# राज्य पांवड्याचेर आदियुवा पथनाट्य सर्तीचें आयोजन

ता. 8 जुलय 2025

ट्रायबल रिसर्च इन्स्टिट्यूट, गोंय हांणी आदिवासी कल्याण संचालनालयाच्या सहकार्यान ता. 11 जुलय 2025 दिसा रविंद्र भवन मडगांव हांगा राज्य पांवड्याचेर आदियुवा पथनाट्य सर्तीचें आयोजन केला. हो कार्यक्रम भगवान बिरसा मुंडा हांच्या 150 व्या जयंतीचो भाग म्हूण जन जातीय गौरव वर्सा निमतान आयोजीत केला.

केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्रालयान गोंय राज्याखातीर राष्ट्रीय पांवड्यार पथनाट्य उत्सव मंजूर केला आनी राष्ट्रीय पांवड्या वयल्या सर्ती पयली राज्य पांवड्याचेर आदियुवा पथनाट्य सर्तीचें आयोजन करपात येता.

11 जुलय 2025 दिसा रविंद्र भवन मडगांव हांगा सकाळी 10.00 वरा सावन आयोजीत करपात येवपी राज्य पांवड्या वयली आदियुवा पथनाट्य सर्त ही आंतर म्हाविद्यालयीन सर्त आसा.

राज्य पांवड्या वयल्या सर्तीत निवड जाल्ल्या पंगडाक ता. 19 आनी 20 ऑगस्ट 2025 दिसा जावपी राष्ट्रीय पांवड्या वयल्या आदियुवा पथनाट्य सर्तीत गोंय राज्याचें प्रतिनिधित्व करपाक मेळटले.

राज्य आनी राष्ट्रीय पांवड्या वयली आदियुवा पथनाट्य सर्त रान हक्क कायदो, 2006, आदिवासी समाज-काल, आयज आनी फाल्या, आदिवासी संस्कृती-सांबाळ आनी समर्पकताय आनी जन जातीय गौरव वर्ष अशां संकल्पनेचेर आयोजीत करतले. फकत हिंदी आनी इंग्लिश भाशेतल्यान सादरीकरण करपाक मेळटले. सर्तीच्या जैतिवंत पंगडांक चषक आनी आकर्शक इनामां भेटोवपात येतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/587

--
----------------------------------------------------------------------------------------------------
Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.